**माननीय सभापतींचे समारोपाचे उलोवप**

**२४-३-२०१७**

**माननीय सदस्य,**

१. आज २४ मार्च, २०१७, जागतिक क्षय रोग दिवस. आमी सगळ्यांनी हो क्षय रोग नष्ट जावपा खातीर काम करचें.

२. आता आमी ह्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या शेवटच्या पावण्याचेर आसात. आता ह्या अधिवेशनाचो समारोप करतात. हें अधिवेशन, १६ मार्च, २०१७, ह्या दिसा सुरू जाल्लें. एकूण ४ बैठको जाल्यो आनी तातून ४ वरां आनी २७ मिं. च्या कालावधीन सभागृहान महत्वाचे आनी अर्थपूर्ण अशें कामकाज जाले.

३. सगळयांत पयलीं, सातव्या विधानसभेचे निवडून आयिल्ले माननीय सदस्यांनी आमदारकीचो सोपूत घेतलो.

४. ह्या सभागृहामुखार, मंत्री मंडळाचेर विस्वासदर्शकाचो प्रस्ताव मांडून, मतदानांक घालून, तें प्रस्ताव २२ आड १६ मतांनी संमत जाले.

५. २२ मार्च, २०१७, ह्या दिसा सभापतीची २० आड १५ मतांनी निवड झाली.

६. २३ मार्च, २०१७, ह्या दिसा गोंय राज्याचे माननीय राज्यपालांचें अभिभाषण जाले. ह्या उपरांत राज्यपालांच्या अभिभाषणाची प्रत सभागृहाच्या पटलाचेर दवरले.

७. २४ मार्च, २०१७, ह्या दिसा उप-सभापतीची २१ आड १५ मतांनी निवड झाली.

८. २४ मार्च, २०१७, ह्या दिसा माननीय मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर, हांणी, वर्स २०१७-२०१८ खातीर गोंय राज्याचो अर्थसंकल्प विधानसभेत सादर केलो.

९. अनुदानित पुरवण्यो मागण्यो २०१६-२०१७ (दुसरो गट) सभागृहामुखार मांडल्यो. तांचेर विचार विनिमय जावन, मतदानांक घालून, सभागृहान त्यो संमत केल्यो. ताज्या अनुषंगान गोंय विनियोग विधेयक, २०१७, मांडून, विचारांत घेवन, मतदानांक घालून, सभागृहान ते विधेयक संमत केले.

**१०.** २०१७-२०१८, ह्या वर्साखातीर लेखानुदान सभागृहामुखार सादर करून, **तांचेर** चर्चा जावन आनी मतदानाक घालून संमत केले. हाका जोडून गोंय विनियोग(लेखानूदान) विधेयक,२०१७, मांडून, विचारांत घेवन, **मतदानांक घालून**, सभागृहान ते विधेयक संमत केले.

**११.** ह्या अधिवेशनान, ३१ शोक निर्देशक सुचना आयले, ते सभागृहान एकमतान संमत केले. ह्या भायर, सरकाराकडल्यान **आयिल्लें** २ **कागदपत्रां** सभागृहा मुखार **दवरले**.

**१२.** सभागृहान संमत केल्ल्या १३ विधेयकांक माननीय राज्यपालांनी संमती दिल्याचे सभागृहाच्या निर्दर्शनाक हाडले. गोंय **विद्यापीठ (दुरुस्ती)** विधेयक, **२०१७, हें** सरकारी विधेयक, सभागृहा मुखार मांडून, विचारांत घेवन, मतदानाक घालून, ते विधेयक सभागृहान संमत केले.

**१३. माननीय सदस्यांचीं**, कामकाज सल्लागार समिती **आणी पेनल ऑफ प्रीसायडींग मेम्बरस** वर्स **(२०१७-२०१८) समितीचेंर** नेमणूक जाल्ली.

**१४.** हे अधिवेशन म्हज्या आनी माननीय आमदार श्री. **मायकल लोबो**, हांच्या खातीर खास आशिल्ले कारण ह्या सभाघराचे सभापती म्हणून म्हजी आनी तांची उप-सभापती म्हणून निवड जाली.

**१५.** हें अधिवेशन यशस्वी करपाखातीर सभागृहाचे माननीय नेते श्री. **मनोहर पर्रीकर**, माननीय विरोधी पक्ष नेते श्री. **चंद्रकांत कवळेकर**, आनी माननीय उप-सभापती श्री. **मायकल लोबो**, हांचो खूब मोठो मोलाचो वाटो आशिल्लो म्हणून हांव तांकां धन्यवाद दिता. सगळे मंत्री, वेगवेगळ्या पक्षांचे नेते, बाकीचे सगळे माननीय आमदार, सहकारी हांचे सहकार्य खूब मोलाचे ठरले, हांव तांकांय धन्यवाद दिता.

**१६.** विधिमंडळाचे सचिव **श्री.निळकंठ सुभेदार**, अन्य अधिकारी आनी विधानसभा सचिवालयाचे सगळे कर्मचारी हांचेंय हांव आभार मानता. मुख्य सचिव आनी विविध खात्यांचे सचिव आनी तांचे सहकारी हांकांय हांव तांच्या सहकार्याखातीर धन्यवाद दिता.

सुरक्षा जाय त्या प्रमाणान दवरून जाणी आमची काळजी घेतली त्या पोलिस महासंचालक आनी तांच्या सगळ्या सहकाऱ्यांचो हांव आभारी आसा. आमच्या गोंयची सगळी वर्तमानपत्रां आनी टी.वी चॅनला, दुरदर्शन, आकाशवाणी हांच्या

प्रतिनिधिंनी आपलो वेळ खर्चून सगळ्या कामकाजाचे वृत्तांकन करून ते लोकांमेरेन पावयले. राष्ट्रीय स्थरावयल्या पत्रकारानीय आमकां सहकार्य दिले म्हणून सगळ्या पत्रकारांक हांव मनातल्यान धन्यवाद दिता.

**१७.** आता आमी राष्ट्रगिता खातीर उबे रावूया.

**१८.** हांव आता सभागृह अनिश्चित काळाखातीर स्थगित करता.

**************